गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>साखळे जाल्ल्या बँकांच्या रीण आनी सेवा मेळाव्याक मुख्यमंत्र्याची उपस्थिती</u>**

ता. 5 ऑक्टोबर 2019

भारत सरकारच्या वित्त मंत्रालयाच्या वित्त सेवा विभागान स्टेट बँक ऑफ इंडीया आनी हेर राष्ट्रीय बँकांच्या सहकार्यान आयज साखळेच्या रविंद्र भवनात गिरायकांक बँकांच्यो रीण आनी हेर सेवां एकाच जाग्यार उपलब्ध करून दिवपाच्या उद्देशान आयोजीत केल्ल्या मेळाव्याचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उकतावण केले.

बँक सेवा गिरायकांच्या दारामेरेन उपलब्ध करपा खातीर आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यक्रमाची संकल्पना “त्योहारों का रंग, मन मे उमंग, बँकों के संग” अशी आशिल्ली आनी ह्या मेळाव्यात 22 वित्त संस्थांनी वाटो घेतिल्लो.

वित्त सचीव श्री. दौलत हवालदार, स्टेट बँक ऑफ इंडीयाचे मुख्य सरवेवस्थापक जी. रविंद्रनाथ, सरवेवस्थापक संजय कुमार, ईडीसीचे जोड वेवस्थापकीय संचालक कार्लोस डिसा, बँक ऑफ इंडियाचे उपसरवेवस्थापक प्रशांत नाईक, बँक ऑफ बरोडाचे उपसरवेस्थापक अमुल्य कुमार, कॉर्पोरेशन बँकेच्यो उपसरवेस्थापक श्रीमती अनंथपल्ली शारदा, युनियन बँकेचे उपसरवेस्थापक प्रशांत कुमार, इंडियन ओव्हरसीज बँकेचे उपसरवेस्थापक गुरूराज कैवार आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणले, गोंय हे देशातले एकमेव राज्य आसा, जंय सगळ्यां घटकांतल्या लोकांक अनेक येवजणों आसात, पुण ह्या येवजणांक लोकांकडल्यान जाय तसो प्रतिसाद मेळना. मुख्यमंत्र्यान प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी सुरू केल्ल्या येवजणांचो उल्लेख करून लोकांनी प्रधानमंत्री सुरक्षा विमा येवजण, प्रधानमंत्री जीवन ज्योती विमा येवजणेखाला नोंदणी करपाक सागले, ज्यो येवजणो मरण येवपी वा अपघातात अपंगुळ जावपी मनशाक विम्याचे संरक्षण दिता.

मुख्यमंत्र्यान लोकांक ल्हान उद्देग, वेवसाय सुरू करपाक तशेंच शेती वेवसायाखातीर रीण सुविधांचो फायदो घेवपाक सांगले.

वित्त सचीव श्री. दौलत हवालदार हांणी लोकांनी बँक सेवांचो फायदो घेवन वेवसाय सुरू करपाक सागले.

सुरवातीक श्री. संजय कुमार हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं लावधारकांक मंजूरीपत्रां आनी भुरग्यांक पासबुक भेटयले. हेजल ब्रागांझा हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी रवी कुमार हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/666